# राज्यपाला हस्तुकीं "कुंजिकलींच्या मुक्ततायेच्यो प्रतिध्वनी" पुस्तकाचे विमोचन

ता. 20 मार्च 2025

राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज राजभवनाच्या दरबार हॉलांत आयोजीत कार्यक्रमात "कुंजिकलींच्या मुक्ततायेच्यो प्रतिध्वनी" ह्या पुस्तकाच्या दुसऱ्या आवृत्तीचे प्रकाशन केले.

कुंजिकलींच्या मुक्ततायेच्यो प्रतिध्वनी हे पुस्तक मूळ मल्याळम भाशेंतल्यान अनुवादित एका दलीत महिलेच्या उठावाची रहस्यमय कथा आसा. हे पुस्तक सैमाच्या चार घटकांचो स्विकारपी आनी पुक्कैथयूरच्या पुराणीक भुंयेंत सामाजीक नेमांक आव्हान दिवपी एक प्रतिश्ठित दलीत महिला कुंजिकलीची मनमोहक काणयेचो उलगडो करता. ह्या कथेत मोग आनी भेदभाव, बरें आनी वायट गजालीचो आसून वाचप्यांक प्रभावीत करता.

पुस्तक प्रकाशन कार्यक्रमाक गोंय विद्यापिठाचे कुलगुरू डॉ. हरिलाल बी. मेनन आनी पुस्तकाच्यो लेखीका प्रा. जयलक्ष्मी आनी प्रकाशक श्री. के पी आर नायर उपस्थित आशिल्लें.

गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती. रीता श्रीधरन पिल्लई हांचीय ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

ह्या वेळार उलयतना राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी लोकांक ग्रामीण जीणेचेर मोग करपाचे आवाहन केले. राज्यपालांन सांगलें, स्वातंत्र्या उपरांत महात्मा गांधीजींक तांच्या गांवांत परत वचपाचे आशिल्लें. राष्ट्रपिता महात्मा गांधी म्हणटालें, "भारत गांवांनी वसला". भारताची खरी तांक ग्रामीण ग्रामीण जीणेचेर आसा, अशें राज्यपालान म्हणलें.

दलीत महिलेच्या जीणेवयल्या ह्या भावनिक कादंबरी खातीर राज्यपालांन बरोवपी आनी प्रकाशकांचे अभिनंदन केले.

पुस्तकाच्यो लेखीका श्रीमती जयलक्ष्मी हांणी आपल्या उलोवपात अनुवादीत पुस्तकाविशीं म्हायती करून दिली आनी श्री पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांच्या साहित्यिक आनी सामाजीक कार्याची तोखणाय केली.

सुरवातेक श्री के पी आर नायर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. . श्री आर. मिहिर वर्धन आयएएस (निवृत्त) हांणीय ह्या वेळार आपले विचार मांडले.

पुस्तक प्रकाशन कार्यक्रमाक राज्यपालांचे सचीव श्री. एम आर एम राव, आयएएस हेवूय उपस्थित आशिल्लें.

नंदना रमण हांणी पुस्तकातलो एक उतारो वाचलो. श्रीमती मेघा मुखर्जी हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/254

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.